**बायलांनी आत्मनिर्भर जावपाचो मुख्यमंत्र्यांचो उलो**

ता. 29 सप्टेंबर 2021

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी राज्यांतल्या बायलांनी जीणेच्या प्रत्येक गजाली बाबतीत आत्मनिर्भर जावन सरकाराच्या स्वयंपूर्ण गोंय मोहिमेचो उद्देश पुर्ण करपाक हातभार लावपाचो उलो मारलो. मुख्यमंत्री पर्वरे सचिवालयांतल्या सेमिनार सभाघरांत गोंय पंचायत महिला शक्ती अभियानान आयोजीत उत्तर गोंय जिल्हा समितीच्या कार्यशाळेच्या समारोप कार्यक्रमात उलयताले.

राज्यांतल्या महिला वर्गाच्या उदरगती खातीर सरकार साबार कल्याणकारी येवजणांची अंमलबजावणी करता. अशां येवजणांचो फायदो गरजू बायलांक मेळचे खातीर संबंदीत सरकारी यंत्रणांनी लोकांक येवजणांची म्हायती करून दिवपाक जाय. सरकारी कल्याणकारी येवजणो लोकांमेरेन पावोवपाखातीर सरकारान स्वयंपुर्ण गोंय मोहिम चालीक लायल्या. कल्याणकारी येवजणांचो गरजू लोकांक लाव मेळोवन दिवपा खातीर ह्या मोहिमेखाला स्वयंपुर्ण मित्रांची नेमणूक केल्या, अशें मुख्यमंत्र्यान सांगलें.

पंचायत मंत्री श्री. माविन गुदिन्हो हांणी गोंय पंचायत महिला शक्ती अभियानान खास करून लोकांक कोवीड म्हामारीच्या काळात लोकांक गरजू लोकांक मजत करपा खातीर केल्ल्या वावराची तोखणाय केली.

ह्या वेळार मुख्यमंत्र्या हस्तुकीं पयले खेप जिल्हा पंचायत वांगडी म्हुण वेंचून आयिल्ल्या बायल वांगड्यांचो सत्कार केलो. तशेंच उत्तर गोंयच्या दिवचल समितीक आनी दक्षीण गोंयच्या धारबांदोडा समितीक उत्कृश्ट गट समिती पुरस्कार भेटयले.

गोंय पंचायत महिला शक्ती अभियानाच्यो राज्य प्रशासक श्रीमती नेली रॉड्रिग्स, राज्य अध्यक्ष श्रीमती दिक्षा कांदोळकर, दक्षीण गोंय जिल्हा पंचायत अध्यक्ष श्रीमती सुवर्णा तेंडुळकर, उत्तर जिल्हा समिती अध्यक्ष श्रीमती उन्नती सहस्त्रबुद्दे हांची कार्यक्रमाक उपस्थिती आशिल्ली.

श्रीमती सुषमा सावंत हांणी कार्यक्रमाचे सुत्रसंचालन केले आनी गोंय पंचायत महिला शक्ती अभियानाच्यो सचीव श्रीमती सनिशा तोरस्कर हांणी निमाणे उपकार मानले.

म्हा /सप/ प्रना / विगां/ 2021/810

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji